*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

# म्हायती खात्यात संविधान आनी माध्यम विशयाचेर व्याख्यान जाले

ता. 15 जानेवारी 2020

म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान संविधान दीस कार्यक्रमाचो एक भाग म्हुण आयज कार्यालयात " भारतीय संविधान आनी माध्यम" ह्या विशयाचेर व्याख्यान आयोजीत केल्ले. ज्येश्ट पत्रकार श्री. प्रकाश कामत हांणी आपल्या व्याख्यानात घटनेतल्या अभिव्यक्ती स्वातंत्र्याविशीं म्हायती दिली. प्रसारमाध्यम हे संविधानाचो चवथो खांबो आसून अभिव्यक्ती स्वातंत्र्याक जबाबदारीय आशिल्ल्याचे तांणी पटोवन दिले.

श्री. कामत हांणी समाज माध्यमांनी जाल्ली वाड, प्रसारीत जावपी फटीच्यों बातमी आनी पेड न्यूजाविशीं उलयताना म्हायती वा बातम्यों छापतना प्रत्येकान खबरदारी घेवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाच्यो संचालीका श्रीमती मेघना शेटगांवकर हांणी संविधान दीसाचे म्हत्व सांगतना नागरिकांचे मूलभूत हक्क आनी कर्तव्यांविशीं मार्गदर्शन केले.

सुरवातीक म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांणी येवकाराचे उलवप केले. जोड संचालक श्री. रमेश नाईक आनी खात्याचे कर्मचारी व्याख्यानाक हजर आशिल्ले.

भारतीय संविधानाचो स्विकार जावन 70 वर्सा पुर्ण जातात आनी त्या निमतान देशात सगळे कडेन फाटल्या वर्साच्या 26 नोव्हेंबरा सावन संविधान जागृताय कार्यक्रम जातात आनी अशें कार्यक्रम 14 एप्रिल 2020 मेरेन जातले. भारतीय नागरिकांमदी आपल्या संविधानाविशीं जागृताय जावप म्हत्वाचे आसा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/48

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA